आकाशवाणी पणजी

राष्ट्रीय खाब्रो

17/12/2025 1830 hrs

भारत आनी इथिओपिया एकाच कुटुंबांतले वांगडी म्हूण चड न्याय्य, समान आनी शांततायेच्या संवसारा खातीर एकठांय उबे रावतात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें, ताणी आयज इथिओपियाचे संसदेंत उपोवप केले .

दोनूय देशां मदल्या शेंकड्यांनी वर्सां पोरन्या संबंदांचेर भर दितना प्रधानमंतत्रांनी सांगलें

मजगती दोनूय फुडाऱ्यांनी द्विपक्षीय आनी परस्पर हिताच्या प्रस्नांचेर चर्चा केली. तशेंच आठ समजीकायेच्या कबलातीचेर स्वासयो केल्यात.

परंपारीक टोल पद्दतीच्या बदलाक फुडल्या वर्साच्या निमाणे मेरेन देशात ऑटोमॅटिक नंबर प्लेट ओळख प्रणाली चालीक लायतले अशे रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी स्पष्ट केला. म्हामार्गाचेर वाहनांचो प्रवास वेळ उणो करपासयत कार्यक्षमताय वाडोवपा खातीर सरकार ही प्रणाली चालीक लायता अशें तांणी सांगलें.

देशांतलें कोळशाचें उत्पादन एक अब्ज टना मेरेन पावलां अशी म्हायती कोळसो मंत्री जी किशन रेड्डी हांणी दिली. फाटल्या धा वर्सांत कोळसो उत्पादन मळार बरीच सुदारणा जाल्या आनी भारत हो संवसारांतलो दुसरो कोळसो उत्पादक देश जाला अशें ताणी सांगलें.

2022 वर्सा सुरू जाल्ली 5जी सेवा सध्या देशांतल्या 99.9 टक्के जिल्ह्यांनी उपलब्ध आसा अशें केंद्रीय संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी आयज सांगलें.

भारतीय रेल्वेन प्रवाशांची सुरक्षीतताय आनी रेल्वे येरादारी वाडोवपा हेतान दोन हजार किलोमीटर परस चड मार्गांचेर कवच हि स्वयंचलीत प्रणाली चालीक लायल्या अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें.
तशेच फाटल्या कांय वर्सांत घेतील्या सुरक्षेच्या वेगवेगळया उपायांक लागून अपघातांचो आंकडो खूब उणो जाला अशें ताणी मुखार सांगलां.

फाटल्या पांच वर्सांत ‘प्रधानमंत्री कौशल विकास येवजणे खाला 53 लाखां वयर उमेदवारांक प्रशिक्षण दिलां अशें केंद्र सरकारान सांगलां. हे येवजणे खाला प्लेसमेंट दर आनी उद्देगीक सहभाग सुदारपा खातीर सरकार जायतीं पावलां उबारता अशी म्हायती कुशळटाय विकास आनी उद्देजकता राज्यमंत्री जयंत चौधरी हांणी दिली.

INAS 335 ऑस्पेज हे दुसरं MH-60R सीहॉक हेलिकॉप्टर नौदलाच्या ताफ्यात आयज अधिकृतपणान दाखल केले. गोयातल्या INS हंसा या नौदळतळावर नौदळ मुखेल ऍडमिरल दिनेश त्रिपाठी हांच्या उपस्थितीत हि कार्यवळीत जाली . नौदळा ची सुरक्षा घटमूट करपाचे दिकेन हे एक व्हड पावल आसा .

संसदेने आयज निरसन आणि सुधारणा विधेयकाक मान्यताय दिल्या. ह्या विधेयकांत कांय कायदे रद्द करपाची आनी हेर कांय कायद्यांत दुरुस्ती करपाची तरतूद आसा.

भारतीय हवामान खात्यान आयज कर्नाटक, तेलंगणा आनी मध्य प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी शियांच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला. तशेच फुडल्या दोन दिसांत दिल्ली, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ आनी ईशान्य भारताच्या कांय वाठारांनी दाट धुकें पातळपाची शक्यताय खात्यान उक्तायला.

भारत आनी दक्षिण आफ्रिका पंगडामदी चलतल्या पाच टी-२०खेळामाळेतलो चौथो खेळ आयज लखनौतल्या भारत रत्न श्री अटल बिहारी वाजपेयी एकना मैदानार जातलो .हो खेळ सांजवेळा 7 वरांचेर सुरू जातलो .